<u>Akashvani Panaji</u>

<u>National News</u>

18th jan 2025 6.30 pm

<u>Pm bengal</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज अस्तंत बंगालांतल्या हुगली जिल्हयांतल्या सिंगूर हांगा 830 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करून बुन्याद घाली . प्रधानमंत्र्यान बालागढ हांगा विस्तारीत बंदर गेट प्रणालीचो बुन्याद घालो, तातूंत उदका येरादारी आयडब्ल्यूटी टर्मिनल आनी रोड ओव्हर ब्रिज हांचो आस्पाव आसा. ह्या कार्यावळीक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्र्यानी ,सगल्या केंद्रीय प्रकल्पांक लागून अस्तंत बंगालाची उदरगत नेटान जातली आनी . विकसीत उदेंत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर केंद्र सरकार वावुरता अशें तांणी सांगलें. फाटल्या इकरा वर्सांत केंद्र कोलकाताांतल्या श्यामा प्रसाद मुखर्जी बंदराची क्षमता विकसीत करता आनी रसद उदरगतींतय योगदान दिता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. ह्या सगळ्या प्रकल्पांक लागून रोजगार निर्माण जातलो. सैमाक अनुकूल येरादारी आनी पाचव्या हालचालीचेर खासा लक्ष दिवपाचें काम सुरू आसा. उदका येरादारीची उदरगत करपा खातीर केंद्र अस्तंत बंगालाक आदार दिता. प्रधानमंत्र्यान जयरामबाती-बरोगोपीनाथपूर-मायनापूर नव्या रेल्वे मार्गाचेंय उक्तावण केलें. ही मार्ग तारकेश्वर-बिष्णुपूर नव्या रेल्वे मार्ग प्रकल्पाचो म्हत्वाचो भाग. प्रधानमंत्र्यान तीन अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयो - हावड़ा - आनंद विहार टर्मिनल अमृत भारत एक्सप्रेस; सीलडा - बनारस अमृत भारत एक्सप्रेस; संत्रगाची- तांबराम अमृत भारत एक्सप्रेस आनी एक प्रवासी गाडयेक भावतो दाखयलो .ह्या वेळार राज्यपाल डॉ सी व्ही आनंद बोस, केंद्रीय मंत्री डॉ सुकांत मजुमदार, शांतूनू ठाकुर, अस्तंत बंगालांतले विरोधी पक्ष फुडारी सुवेन्दु अधिकारी आनी हेर लोक हाजीर आशिल्ले

<u>Pm assam</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आसामांतल्या नागांव जिल्हयांतल्या कालियाबोर हांगा स हजार 950 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या काजीरंगा एलिव्हेटेड कॉरिडोर प्रकल्पाचो बुन्याद घालो.८६ किलोमीटर लांबायेचो काझीरंगा एलिव्हेटेड कॉरिडोर प्रकल्प

हो पर्यावरणाची जाणविकाय आशिल्लो राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्प.तातूंत 35 किलोमीटर उंचायेचो वन्यजीव मार्ग आसतलो जो काझीरंगा राश्ट्रीय उद्यानांतल्यान वचतलो. उद्यानाच्या गिरेस्त जैवविविधतेची राखण सुनिश्चीत करतना प्रादेशिक जोडणी सुदारपाचो ह्या प्रकल्पाचो हेत आसा.हो प्रकल्प नागांव, कार्बी आंगलोंग आनी गोलाघाट जिल्ह्यांतल्यान वचतलो आनी वयल्या आसाम, कालियाबोरांत उदरगतीच्या कामांचो उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना मोदी हांणी म्हणलें, काझीरंगा फकत राष्ट्रीय उद्यान न्हय तर आसामाचो जीव.युनेस्कोन काझीरंगाक संवसारीक दायज स्थळ म्हूण मान्यताय दिल्या अशें तांणी सांगलें. फाटल्या वर्सांनी काझीरंगांतल्या पर्यटकांचो आंकडो स्थिरपणान वाडत आसा अशें श्री मोदी हांणी उक्तायलें.byte काझीरंगा आनी ताच्या रानवटी जनावरांची राखण करप म्हणल्यार फकत पर्यावरण संवर्धन न्हय, तर आसामाच्या फुडारा कडेन आनी फुडल्या पिळग्यां कडेनय जापसालदारकी अशें तांणी सांगलें.आसामांतलें भाजपा सरकार घुसखोरीचेर मात करता, रानां सांबाळटा, धर्मीक, सांस्कृतीक आनी इतिहासीक थळांची राखण करता, अतिक्रमणापसून मुक्त करपाची पद्दत प्रधानमंत्र्यान आसामांतल्या नागांव जिल्ह्यांतल्या कालियाबोर हांगा दोन नव्या अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयांनी ध्वज दिलो. कामाख्या-रोहतक अमृत भारत एक्सप्रेस आनी डिब्रूगढ-लखनौ (गोमती नगर) अमृत भारत एक्सप्रेस ह्यो गाडयो आसात.

काझीरंगा आनी ताच्या रानवटी जनावरांची राखण करप म्हणल्यार फकत पर्यावरण संवर्धन न्हय, तर आसामाच्या फुडल्या पिळग्यांची  जापसालदारकी अशें तांणी सांगलें.

आसामांतलें भाजपा सरकार घुसखोरीचेर मात करता, रानां सांबाळटा, धर्मीक, सांस्कृतीक आनी इतिहासीक थळांची राखण करता, अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें.फाटल्या दशकांत देशांत रानां आनी झाडांचो आच्छादन वाडला अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. एक पेड माँ के नाम मोहिमे खाला आतां मेरेन 260 कोटी परस चड झाडां लायल्यात अशें तांणी सांगलें. सैम आनी उदरगत एकठांय जावंक शकता अशे पाणी मुखार सांगलें .आतां पुराय देशांतल्या लोकां खातीर भाजपाक पयलें प्राधान्य आसा.  भाजपा हीं पुरवण करपाक कटिबद्ध आसा थंय लोक बऱ्या प्रशासन आनी उदरगतीची मागणी करतात अशें प्रधानमंत्री हांणी जोडलें.

Imd 40

भारतीय हवामान खात्यान उत्तर प्रदेशात दाट धुकें पातळपाचो अदमास उक्तायला आनी आयज औरंगे अलर्ट जारी केला .

दादल्यांच्या क्रिकेटांत इंदौरांत जाल्ल्या तिसऱ्या एका दिसाच्या खेळांत न्यूझीलंड आनी भारत पंगड आड खेळ जात सध्याची एकदिवसीय मालिका 1-1 अशी बरोबरीचेर आसा, पयली मॅच भारतान आनी दुसरी मॅच न्यूझीलंडान जिखल्या.